Panaji National 20th August 2025 8.40am

- राजस्थानांतल्या कोटा-बुंदीत 1500 कोटी रुपयां परस चड खर्च करून ग्रीनफील्ड विमानतळ विकसित करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या; ओडिशांत आठ हजार कोटी रुपया परस चड खर्चाच्या स लेन, कॅपिटल रीजन रिंग रोड बांदपाकय मान्यताय दिल्या.

- राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी-एनडीएचे उपराष्ट्रपतीपदाचे उमेदवार सी.पी. राधाकृष्णन आज आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल करतले.

- विदेशमंत्री डॉक्टर सुब्रह्मण्यम जयशंकर आज भारत-रशिया आयोगाचे 26व्या बसकेची सह येजमानकी चलयतले.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात, गोंय आनी महाराष्ट्राच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला.
- महाराष्ट्रांत पावस आनी हुंवार संबंदीत घडणुकांक लागून फाटल्या चार दिसांत 21 जाणांक मरण आयलां.

- भारतीय अंडर 17 बायलांचो पंगड आज भूतानांत नेपाळा आडच्या खेळा वरवीं SAFF अंडर 17 बायलां चॅम्पियनशिप 2025 मोहिमेक सुरवात करतलो.

Vaishnaw – 70
राजस्थानातल्या कोटा-बुंदीत 1,507 कोटी रुपया खर्च करून ग्रीन फिल्ड विमानतळ विकसित करपाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या निर्णयांची घोशणा केली.
VAISHNAW- KOTA AIRPORT
मंत्रीमंडळान ओडिशांत 8,307 कोटी रुपया परस चड खर्च करून स पदरी-नियंत्रित, कॅपिटल रीजन रिंग रोड बांदपाकय मान्यताय दिल्या अशे वैष्णव हांणी सांगलें.
PM Cabinet – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ओडिशा आनी राजस्थानां संबंदीत मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां खातीर दोनूय राज्यांच्या लोकांक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत भुवनेश्वरांतल्या लोकांचो उल्लेख करून मोदी हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पाक लागून गर्दी उणी जातली आनी जिण सुलभ जातली. नव्या विमानतळा खातीर राजस्थानांतल्या लोकांक परबीं दितना मोदी हांणी सांगलें, कोटा-बुंडी हांगा ग्रीनफील्ड विमानतळाच्या विकासाक सरकारान मान्यताय दिल्या. हाका लागून देशभरांतल्यान हांगा येवपी लोकांक हवाई प्रवास सोपो जातलो आनी पर्यटन आनी आनी रोजगाराकय चालना मेळटली अशें तांणी सांगलें.

NDA Radhakrishnan – 195

राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी-एनडीएचे उपराष्ट्रपतीपदाचे उमेदवार सी.पी. राधाकृष्णन आज आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल करतले. उमेदवारी अर्ज दाखल करपाचे प्रक्रियेंत एनडीएचे सगळे फुडारी वांटो घेतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विरोधी पक्षां सयत सगळ्या राजकी पक्षांक एनडीएचो उपराष्ट्रपतीपदाचो उमेदवार सी.पी. राधाकृष्णन हांची एकमतान निवड करपाचे आवाहन केला. काल नवी दिल्लींत जाल्ले एनडीए संसदीय पक्षाचे बसकेंत मोदी हांणी राधाकृष्णन हांची एनडीए खासदारां कडेन वळख करून दिली आनी तांणी खासदार आनी राज्यपाल म्हणून वेगवेगळ्या पदांचेर कार्यक्षमतेन काम केल्ल्या ताच्या दीर्घ भौशीक जीवनाचो उल्लेख केलो.

बसके उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, उपराष्ट्रपती वेंचणुके खातीर राधाकृष्णन हांका एकमतान तेंको दिवपाचें आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी सगळ्या राजकी पक्षांक आनी सगळ्या खासदारांक केलां.

मजगतीं, विरोधी पक्ष I.N.D.I.A. ब्लॉकान उपराष्ट्रपती वेंचणुके खातीर सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश बी सुदर्शन रेड्डी हांकां उमेदवारी दिल्या. रेड्डी ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल करतले अशी म्हायती तांणी दिली.

उपराष्ट्रपती पदा खातीर वेंचणूक फुडल्या म्हयन्याच्या णव तारखेक जातली. उप्राष्ट्रपती पदाखातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची निमाणी तारीक 21 ऑगस्ट 2025 आसा. उमेदवारीची अर्जाची छाननी 22 ऑगस्टाक जातली जाल्यार ह्या म्हयन्याच्या 25 मेरेन अर्ज फाटीं घेवंक मेळटले. जगदीप धनखर हाणी फाटल्या

म्हयन्यांत भलायकीच्या कारणांक लागून राजिनामो दिल्ल्यान हि वेंचणूक जाता. ही 17वी उपराष्ट्रपती वेंचणूक आसतली.

Jaishankar – 50

विदेशमंत्री डॉक्टर सुब्रह्मण्यम जयशंकर आज भारत-रशिया व्यापार,अर्थीक वेव्हार, शास्त्रीय, तंत्रीक आनी सांस्कृतीक सहकार आयोगाचे 26व्या बसकेची सह येजमानकी चलयतले. डॉ जयशंकर मॉस्कोंत भारत-रशिया व्यवसाय मंचात उलोवप करतले. परराश्ट्र मंत्री काल सांजवेळार रशियेच्या तीन दिसांच्या अधिकृत भेटेर मॉस्कोत पावले. हे भेटी वेळार परराश्ट्र मंत्री रशियेचे परराश्ट्र मंत्री सर्गेई लावरोव हाकाय मेळटले.

PM Gaya – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 22 ऑगस्टाक बिहारांतल्या गया शारांत औंठा-सिमरिया प्रकल्पाचें उक्तावण करतले.ह्या प्रकल्पांत गंगा न्हंयचेर सुमार दोन किलोमीटर लांब पूल बांदपाचो आसपाव आसा. हो पुल पाटणा जिल्हयांतल्या मोकामा आनी बेगूसराय हांचे मदीं थेट संपर्क प्रदान करतलो. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणाचे वांगडी अनिल चौधरी हांणी हो पूल पोरन्या 2 लेन रेल्वे आनी रस्तो पुल ‘राजेंद्र सेतु’च्या समांतर बांदला अशे सांगले. नव्या पुलाक लागून उत्तर बिहार आनी दक्षिण बिहार हांचे मदीं वचपी जड वाहनां खातीर शंबर किलोमीटर मेरेनचे अतिरिक्त प्रवास अंतर उणें जातलें अशें तांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पाचो बुन्याद फातर प्रधानमंत्री मोदी हांणी 2017 वर्सा घाल्लो.

Doval – 55

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल आनी चीनाचे परराश्ट्र मंत्री वांग यी हांचे मदि काल नवी दिल्लींत भारत आनी चीन हांचे मदल्या शिमेच्या वादाचेर खाशेल्या प्रतिनिधी संवादाची 24वी फेरी जाली. फाटल्या णव म्हयन्यांत शिमेचेर परिस्थिती सुदारल्या आनी परिस्थिती शांतताय आनी स्थीर आसा अशें डोवाल हांणी सांगलें. दोनूय देशां मदले द्विपक्षीय संबंद घटमूट उरल्यात अशें तांणी मुखार सांगलें.

Byte – Doval meeting

India Post – 70

इंडिया पोस्टन घोषणा केली की तांणी आयटी २.० - प्रगत पोस्टल टेक्नॉलॉजी (एपीटी) ची देशभरात सुरवात करून डिजिटल परिवर्तनाच्या एका नव्या युगात

प्रवेश केला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो दूरदृष्टीन आणि केंद्रीय दळणवळण मंत्री ज्योतिरादित्य एम. सिंधिया हांच्या मार्गदर्शनाखाला सुरू केल्लो हो उपक्रम इंडिया पोस्टच्या डिजिटल इंडियाच्या दिकेत एक वाटचिरो. सेंटर फॉर एक्सलन्स इन पोस्टल टेक्नॉलॉजीन स्वदेशी पद्धतीन विकसित केलली ही प्रणाली सरकारच्या मेघराज २.० क्लाउडचेर चतलता आणि बीएसएनएलच्या देशव्यापी कनेक्टिव्हिटीची ताका जोड आसा.

PM Trainees – 60

भारतीय परराष्ट्र सेवेच्या २०२४ च्या तुकडीच्या अधिकारी प्रशिक्षणार्थींनी काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. ह्या संवादांत प्रधानमंत्र्यान भारताची विश्वबंधू म्हूण भुमिकेचेर भासाभास केली आनी गरजेच्या वेळार देशा खातीर सगळ्यांत प्रथम प्रतिसाद दिवपी देश म्हणून भारत उदयाक आयला हाचे प्रसंग उल्लेख केल्यात. २०४७ पर्यंत देश विकसित जावपाच्या उद्दिष्टाकडे वाटचाल करत आसताना, भविष्यातले राजनयिक म्हणून अधिकारी प्रशिक्षणार्थींच्या भूमिकेचे महत्त्व हाजेर मोदी हाणी चर्चा केली.

IMD/Mumbai – 95

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात, गोंय आनी महाराष्ट्राच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला.महाराष्ट्रांत पावस आनी हुंवार संबंदीत घडणुकांक लागून फाटल्या चार दिसांत उण्यांत उणे 21 जाणांक मरण आयलां. मुंबय, ठाणे, पालघर कोंकण आनी महाराष्ट्रांतल्या हेर वाठारांनी सेगीत चवथ्या दिसा घोग्यांनी पावस अजूनय सुरूच आसा. हुंवाराचो खर परिणाम जाल्ल्या नंदेड जिल्ह्यांतच  आठ जाणांक मरण आयलां. आयएमडी प्रमाण, मुंबयत सुमार ३०० मिमी इतलो  विक्रमी पावस पडला, जाका लागून शारातले जनजीवन विस्कळीत जाला. हवामान खात्यान आज विदर्भ वाटारा खातीर रेड अलर्ट जारी केला. ठाणे आनी रायगड जिल्ह्यांनी आयज शाळा आनी म्हाविद्यालयांक सुटी जाहीर केल्या.

SAFF – 65

भारतीय अंडर 17 बायलांचो पंगड आज 14:30 वरांचेर भूतानांतल्या थिम्फू हांगाच्या चांगलिमिथांग स्टेडियमाचेर नेपाळा आडच्या खेळा वरवीं SAFF अंडर 17 बायलां चॅम्पियनशिप 2025 मोहिमेक सुरवात करतलो. नव्या सर्तीच्या स्वरूपांत चार पंगड - बांगलादेश आनी भूतान हे हेर दोन - डबल राउंड रॉबिन लीगांत एकामेकां आड

खेळटले, म्हणल्यार दरेक पंगड स मॅची खेळटलो. 31 ऑगस्टाक निमाणि मेची उपरांत गुणतालिकेत पयल्या क्रमांकाचेर पावपी पंगडाक विजेतेपदाचो किताब मेळटलो.

Cricket – 110

क्रिकेटांत सूर्यकुमार यादव फुडल्या म्हयन्याच्या 9 तारखे सावन युएईंत जावपी आशिया कप 2025 सर्ती खातीर 15 वांगड्याच्या भारतीय टी-20 पंगडाचे फुडारपण करतलो. भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (बीसीसीआय)न काल ही घोशणा केली. मजगतीं, फुडल्या म्हयन्याच्या 30 तारखे सावन भारतांत जावपी आयसीसी बायलांच्या वनडे विश्वचषका खातीरय 15 वांगड्यांचो पंगडय जाहीर जाला. वन डे विश्वचषकांत पयलेच खेपे वरिश्ठ फलंदाज हरमनप्रीत कौर भारताचें फुडारपण करतली आनी स्टार सलामीवीर स्मृति मंधनाची उपकर्णधार म्हणून नेमणूक केल्या.